## वेंचून आयिल्ले प्रतिनिधी आनी मतदारांमदी बरे संबंध आसप गरजेचे- पिल्लई

ता. 6 सप्टेंबर 2022

राज्य आनी लोकांच्या विकासाखातीर वेंचून आयिल्ले लोकप्रतिनिधी आनी मतदारांमदी बरे संबंध आसापाक जाय आनी अशें वातावरण गोंयांत पळोवक मेळटा. लोकांच्यो समस्यां जाणून घेवपा खातीर वेंचून आयिल्ले लोकप्रतिनिधी सदाच लोकांच्या संपर्कात रावतात हे पळोवन आपूण प्रभावीत जाला, अशें मत राज्यपाल, श्री पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी उक्तायले.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आयज "संपूर्ण गोवा यात्रेचो" भाग म्हूण दिवचल तालुक्यातल्या कारापूर हांगाच्या श्री विठ्ठल मंदिर आनी सत्तरी तालुक्यातल्या वाळपय आनी होंडा हांगा दिल्ल्या भेटी वेळार उलयताले.

कारापूर, सांखळी हांगाच्या श्री विठ्ठल मंदिरात आदले मुख्यमंत्री आनी श्री विठ्ठल देवस्थानचे अध्यक्ष श्री प्रतापसिंह राणे, आमदार डॉ. देविया राणे हांणी श्री पिल्लई हांका येवकार दिलो. पिल्लई हांणी श्री विठ्ठलाचे दर्शन घेवन प्रार्थना केली. श्री.राणे हांणी राज्यपालांक विठ्ठल मंदिराच्या इतिहासाची माहिती दिली.

उपरांत राज्यपालान वाळपय हांगा भेट दिली. आमदार डॉ. देविया राणे हांणी तांका येवकार दिलो. वाळपयच्यो नगराध्यक्ष शैज्जीन शेख, उपनगराध्यक्ष श्री अनिल काटकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री संजीव गांवस देसाय, उपजिल्हाधिकारी श्री प्रवीण परब, गटविकास अधिकारी सूर्याजीराव राणे, राज्यपालांचे सचिव श्री मिहीर वर्धन, श्री विनोद शिंदे आनी हेर लोकप्रतिनिधी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

त्या उपरात राज्यपालांन होंडा, पर्ये, मोर्ले, केरी, भिरोंडा, पिसुर्ले, माऊस, डोंगुर्ली, ठाणे नगरगाव, सावर्डे, खोतोडे, आनी गुळेली ग्रामपंचायतींचेर नवीन वेंचून आयिल्ल्या सरपंच आनी पंचावांगडा संवाद साधलो. सरपंचांनी आपल्या संबंधीत ग्रामपंचायत वांठारांतल्या विकासाची राज्यपालाक माहिती दिली.

राज्य सरकारन गोंयांत तोखणायेची उदरगत केल्ल्याचो उल्लेख करून राज्यपालान थळाव्या लोकप्रतिनिधीकडल्यान राजभवनाकडेन येवपी मागण्यांकडेन लक्ष दिवपाचे आनी तांच्यो मागण्यो संबंधीत खात्यांकडेन पावोवपाचे उतर दिले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. देविया राणे हांणी राज्यपालांन आपवावूरपी संस्था आनी डायलिसिस दुयेंतींक आर्थिक मदत करपा खातीर सुरू केल्ल्या उपक्रमाची तोखणाय केली. राज्यपालांच्या "संपूर्ण गोवा यात्रा" उपक्रमाचीय डॉ. देविया राणे हांणी तोखणाय केली आनी सत्तरी तालुक्याचो पर्यटनाच्या दृश्टीन विकास करपाक आपले प्राधान्य आसतले, अशें सांगले.

ह्या वेळार सत्तरी तालुक्यातल्या डायलिसिस दुयेंतींक राज्यपालांच्या हस्तुकीं आर्थिक मदत भेटयली.

**राज्यपाल श्री. पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी भुईपाल हांगाच्या एसीजीएल प्रकल्पाकय भेट दिली.**

ACGL **चे सीईओ आनी कार्यकारी संचालक श्री ओ वी अजय हांणी राज्यपालांक येवकार दिलो आनी प्रकल्पातल्या कामाची माहिती दिली. श्री रघुवेंद्र बुटोला, श्री प्रकाश नाईक, श्री दिलीप देसाय, श्री क्रिस्ट गोम्स आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/504

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji